# <u>लोगो खातीर घोशवाक्य सुचोवपाची सर्त</u>

ता. 9 सप्टेंबर 2020

गोंय राज्य ओलसर भूंय अधिकारीणीन आपल्या लोगो खातीर घोशवाक्य सुचोवपाक प्रवेशीका मागयल्यात. घोशवाक्याच्या थोडेभितर स्पश्टीकरणासयत प्रवेशीका सुपूर्द करपाक जाय. अधिकारीणीन हे आदीच लोगोची निवड केल्ली आसा आनी ह्या सर्ती वरवीं निवड करपात येवपी घोशवाक्य लोगो खातीर वापरतले. घोशवाक्यात ओलीत क्षेत्रातल्या जैविकतेचो सांबाळ करपाचो संदेश आसपाक जाय.

घोशवाक्य चड करून कोकणी, इंग्लिश वा मराठी भाशेतल्यानआसचे. अधिकारीणी कडल्यान घोशवाक्याचे चडात चड भाशांनी भाशांतर जातले. घोशवाक्याची उतरां 10 परस चड आसची न्हय. चोरयेच्या घोशवाक्याच्यो प्रवेशीका अपात्र थारायतले. ही सर्त सगळ्यां खातीर उकती आसा. सर्तक कितल्योय प्रवेशीकां धाडपाक शकता. घोशवाक्य goawetland@gmail.com ह्या ई-मेलाचेर ‘MOTTO (BRIDVAKYA) FOR GSWA ह्या विशया सयत धाडचे. जैतवंताक प्रशस्तीपत्र आनी रोख 5000/- रूपयांचे इनाम दितले. प्रवेशीका धाडपाची निमणी तारीख 28 सप्टेंबर 2020 सांजेच्या 5.00 वरांमेरेन आसा.

चड म्हायती खातीर 7350846954 ह्या फोननंबराचेर वा goawetland@gmail.com ह्या ई-मेलाचेर वा www.gsbb.goa.gov.in ह्या संकेतथळाचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/446

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA